०७-०७-२०२५

सकाळी - ८.४०

राश्ट्रीय खबरो

मुखेल खबरो :

ब्राझीलांतल्या रिओ द जीनेरीओत सुरु आशिल्ल्या ब्रिक्स शिखर सभेंत ‘फुडाऱ्यांच्या घोशणापत्रान’ 22 एप्रीलाक जम्मू-काश्मीरांत जाल्ल्या आतंकवादी हल्ल्याचो खरपणान केलो निशेध .

आतंकवादाचेर निर्बंध घालपाक कसलोच संकोच करचो न्हय अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हळा.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज सतराव्या ब्रिक्स शिखर परीशदेत ब्रिक्स देश आनी भागीदार हांचे वांगडा ‘भोवपक्षीयता, अर्थीक-आर्थीक गजाली आनी कृत्रिम बुद्धिमत्ता’ ह्या विशयाचेर जाल्ल्या संवाद सत्रांत वांटो घेतलो.

बिहारात मतदार वळेरींनी खासा सुदारणा करपाचे काम मतदारांच्या सक्रिय सहकार्यान सुरळीतपणान सुरू आसा.

बर्मिंगहॅमातल्या एजबॅस्टनात जाल्ल्या अँडरसन-तेंडुलकर ट्रॉफीच्या दुसऱ्या कस लावपी क्रिकेट खेळात भारताने यजमान इंग्लंड पंगडाचेर ३३६ धावंड्यानी इतिहासिक जैत जोडले.

बीजिंगात चलतल्या आशियाई पॅरा-तिरंदाजी सर्तींत काल भारताचो खेळगडो हरविंदर सिंगान दोन भांगरा पदका मेळयली.

घोशणापत्र - ५०

ब्राझीलांतल्या रिओ द जीनेरीओत सुरु आशिल्ल्या ब्रिक्स शिखर सभेंत 'फुडाऱ्यांच्या घोशणापत्रान' 22 एप्रीलाक जम्मू-काश्मीरांत जाल्ल्या आतंकवादी हल्ल्याचो खरपणान निशेध केला. ह्या हल्ल्यात 26 जाणांक मरण आयिल्ले. आतंकवाद्यांची शिमेभायली हालचाल, आतंकवादाक अर्थीक आदार आनी सुरक्षीत आश्रय अशा सगळ्या प्रकारांनी आनी प्रकटीकरणांनी आतंकवादाक आडावपाची वचनबद्धताय ब्रिक्स फुडाऱ्यांनी परतून उलोवन दाखयली. आतंकवादाक शून्य सहिश्णुताय सुनिश्चीत करपाचो उलो हेवेळार मारलो.

ब्रिक्स शिखर परिषद - २००

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी भोवध्रुवीय आनी समावेशक जागतिक वेवस्थेवर भर दिला. ब्राझीलातल्या रिओ दि जीनेरिओत जाल्ल्या ब्रिक्स शिखर परिषदेच्या पयल्या सत्रात प्रधानमंत्री उलयताले. संवसारीक संस्थांमदी व्यापक सुधारणा करून ताची सुरुवात जावपाक जाय अशें तांणी म्हळे. अशें उपाय फकत प्रतीकात्मक आसचे न्हंय, तर तांचो परिणाम स्पष्टपणान दिसूंक जाय. प्रशासकीय व्यवस्था, मतदानाचे अधिकार आनी नेतृत्व वेवस्थेत बदल करपाचे

आवाहन हेवेळार केले. धोरण थारायताना उण्या विकसित आनी विकसनशील देशांक व्हड प्राधान्य दिवपाचे आवाहन तांणी केले. विकास, संसाधनांचे वितरण आनी सुरक्षेकडेन संबंधित गजालींविशी ह्या देशांक बरेच फावट दुटप्पीपणाक फुडो करचे पडटा अशें तांणी स्पश्टपणान सांगले. आतामेरेन ह्या देशांच्या हितांक योग्य महत्त्व दिवूंक ना. जागतिक संस्थांमदी तांचे फाव इतले प्रतिनिधित्व आसूंक जाय. संवसारीक अर्थवेवस्थेंत म्हत्वाची भुमिका आसून लेगीत निर्णय घेवपाचे प्रक्रियेंत फावो ती सुवात मेळूंक नाशिल्ल्यांमदी जायते देश आसात अशें तांणी सांगलें. ह्या देशांक प्राधान्य दिल्यार फकत तांचें प्रतिनिधीत्वच न्हंय तर तांची विस्वासपात्रताय आनी परिणामकारकताय वाडटली अशेंय प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें. फावो तें प्रतिनिधीत्व नाशिल्ल्यान चालू आशिल्ल्या संघर्श, महामारी आनी अर्थीक संकश्टां आनी सायबर आनी अंतरिक्षांतल्या उदयाक येवपी आव्हानां वेळार हे देश प्रभावी उपाय सुचोवपाक अपेशी थारल्यात अशेंय तांणी म्हळे. संयुक्त राष्ट्र सुरक्षा मंडळ, संवसारीक भलायकी संघटना, बहुपक्षीय उदरगत बँक ह्या सारक्या संवसारीक संस्थांनी सुदारणा करपाचो उलोय हेवेळार प्रधानमंत्र्यानी मारलो.

पी एम ब्रिक्स - आतंकवाद - १६०

आतंकवादाचेर निर्बंध घालपाक मुखार सरचे अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हळा. आतंकवाद आनी तांचे समर्थन करप्यांक एकाच पावंड्यार दवरप चूकीचे

अशेंय ते उलयले. ब्राझीलातल्या ब्रिक्स शिखर परिषदेत शांतीकाय आनी सुरक्षा सत्रात ते उलयताले.  आयज मनीसजाती मुखार आतंकवाद हें सगळ्यांत गंभीर आव्हान. 22 एप्रीलाक पहलगामांत जाल्लो आतंकवादी हल्लो हो भारताच्या आत्म्याचेर, अस्मितायेचेर आनी स्वाभिमानाचेर थेट हल्लो अशेंय प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें. आतंकवादाक प्रत्यक्ष वा अप्रत्यक्ष आदार दिवपी देशांक ताचें मोल फारीक करचें पडटलें अशेंय तांणी सांगलें. ब्रिक्स देशांनी एकठांय येवन आतंकवाद आनी ताका तेंको दिवपी लोकां आड आवाज काडचो अशें तांणी सांगलें. आतंकवादाची निशेध करप हें आमचें तत्व आसूंक जाय, फकत सोयीची गजाल न्हय. परिस्थिती कितलीय गुंतागुंतीची आसली तरी मनीसजातीच्या कल्याणा खातीर शांततायेचो मार्ग हो एकूच पर्याय हाचेर भारताचो खर विस्वास आसा अशेंय ते उलयलें. संवसारांत झुजाक आनी हिंसाचाराक सुवात आसूंक फावना कारण मनीसपणाची उदरगत फकत शांत आनी सुरक्षीत वातावरणांत शक्य जाता. हें ध्येय साध्य करपाक ब्रिक्स देशांची भुमिका खूब म्हत्वाची अशेंय प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी हेवेळार सांगले.

प्रधानमंत्री-आउटरीच सत्र -१००

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज सतराव्या ब्रिक्स शिखर परीशदेत ब्रिक्स देश आनी भागीदार हांचे वांगडा 'भोवपक्षीयता, अर्थीक-आर्थीक गजाली आनी कृत्रिम बुद्धिमत्ता' ह्या विशयाचेर जाल्ल्या संवाद सत्रांत वांटो घेतलो.  प्रधानमंत्री मोदी

हांणी आपल्या उलोवपात आंतरराश्ट्रीय सहकार्याक आनी बहुध्रुवीय संवसाराक उत्प्रेरक म्हूण ब्रिक्साचें म्हत्व सांगलें. नव्या विकास बँकेन चलयल्ल्या प्रकल्पांत मागणी आदारीत पद्दत आनी दीर्घकाळ अर्थीक थीरतायेची गरज आसा असो उलो तांणी मारलो. प्रधानमंत्र्यानी हेवेळार कृशी जैवतंत्रगिज्ञान आनी डिजिटल शिक्षणांतल्या भारताच्या उपक्रमांचेर नदर मारली आनी ब्रिक्स विज्ञान आनी संशोधन निधी तयार करपाचोय उलो मारलो. फुडल्या वर्सा भारतात आयोजीत "एआय इम्पॅक्ट समिट" खातीर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी ब्रिक्स भागीदार देशांक आमंत्रीत केले.

पी एम - मलेशिया पी एम भेट - ११०

ब्राझीलातल्या रिओ दि जीनेरीओत सुरू आशिल्ल्या १७ व्या ब्रिक्स शिखर परिषदेच्या फाटभूंयेर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज मलेशियाचे प्रधानमंत्री अन्वर इब्राहिम हांची भेट घेतली. दोनूंय फुडा-यानी संरक्षण, आतंकवाद, शिक्षण, व्यापार, गुंतवणूक आनी वखदानिर्माण ह्यासयत भारत-मलेशिया 'व्यापक धोरणात्मक भागीदारी'च्या वेगवेगळ्या मळावेल्या प्रगतीचो नियाळ घेतलो. भारत-आसियान भागीदारीचेर लेगित हेवेळार तांणी चर्चा केली. पहलगाम आतंकवादाचो हल्ल्याचो खर निषेध केल्ल्याविशी प्रधानमंत्री इब्राहिम हांचे प्रधानमंत्र्यांनी उपकार मानले.

शिखर परिषदेच्या निमतान प्रधानमंत्र्यांनी क्युबाचे राश्ट्राध्यक्ष मिगुएल डियाझ-कॅनेल बर्मुडेझ हांचीय भेट घेतली. दोनूंय फुडा-यांनी आर्थिक सहकार्य, जैवतंत्रगिज्ञान, वखदानिर्माण, आयुर्वेद आनी पारंपारिक वखदा, डिजिटल भौशिक मुळाव्यो सुविधा आनी यूपीआय, आपत्ती वेवस्थापन आनी क्षमता बांधणी ह्यासयत भारत-क्युबा संबंधांच्या वेगवेगळ्या विशयांचेर चर्चा केली.

जयशंकर - ६०

विदेश वेव्हार मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हांणी ब्राझीलातल्या रिओ दि जिनेरीओत इराणचे विदेश वेव्हार मंत्री सय्यद अब्बास अराघची हांची भेट घेतली. अराघची हांचेकडेन हालीच जाल्ल्या प्रादेशिक घडामोडींविशी चर्चा केली अशें सोशल मीडिया पोस्टात डॉ. जयशंकर हांणी म्हळे. जयशंकर हांणी मेक्सिकोचे विदेश वेव्हार मंत्री जुआन रामोन डे ला फुएंते हांचीय भेट घेतली. दोनूंय फुडा-यांनी भलायकी, डिजिटल, तंत्रगिज्ञान आनी अंतराळ क्षेत्रात भारत-मेक्सिकोची भागीदारी आनीक वाडोवपाचेर चर्चा केली.

बिहार वेचणूक आयोग - ७०

बिहारात मतदार वळेरींनी खासा सुदारणा करपाचे काम मतदारांच्या सक्रिय सहकार्यान सुरळीतपणान सुरू आसा. हाचो पयलो पावंडो लागीलागी पूराय जाला अशें वेचणूक आयोगान एका निवेदनात म्हळा. सगळे पात्र मतदारांक अर्ज

उपलब्ध करून दिल्यात अशें तांणी सांगले. आतामेरेन एक कोटी ६९ लाखांपरस चड मतमेजणी अर्ज प्राप्त जाल्यात. अर्ज अपलोड करण्याचे काम लेगित सुरू आसा. मतदार २५ जुलै पयली तांची कागदपत्रा सादर करूंक  शकतात अशें वेचणूक आयोगान म्हळा.

पॅरा-तिरंदाजी सर्त - ३०

चीनची राजधानी बीजिंगात चलतल्या आशियाई पॅरा-तिरंदाजी सर्तींत काल भारताचो   खेळगडो हरविंदर सिंगान दोन भांगरा पदका मेळयली. पदकतालिकेत भारत चीना उपरांत आता दुसऱ्या सुवातेर आसा. भारतान आतापर्यंत तीन भांगरा, तीन रुप्या आनी तीन कांश्यापदका मेळयल्यात.

हवामान - ७०

राष्ट्रीय राजधानी प्रदेश दिल्लीच्या कांय वाठारांनी आयज सकाळीं पावस पडिल्ल्यान उश्णतायेंतल्यान कांय प्रमाणांत थाकाय मेळ्ळी. हवामान खात्यान आयज छत्तीसगढ, उदेंत मध्य प्रदेश, मध्य महाराष्ट्र आनी विदर्भा हांगा वादळी पावसाचो अदमास उक्तायला. उत्तराखंड, गुजरात, कोंकण, गोंय, ओडिशा, मध्य प्रदेश, दर्यादेगेवेल्या कर्नाटक आनी उत्तर प्रदेश ह्या सारक्या वायव्य भारतांतल्या कांय वाठारांनी आयज गडगडाटासयत पावस पडपाची शक्यताय आसा. हवामान

खात्यान दिल्ले म्हायती प्रमाण फुडले सात दीस वायव्य, अस्तंत, ईशान्य, उदेंत, वाठारातूंय गडगडाटासयत पावस पडपाची शक्यताय आसा.

क्रिकेट - ९०

बर्मिंगहॅमातल्या एजबॅस्टनात जाल्ल्या अँडरसन-तेंडुलकर ट्रॉफीच्या दुसऱ्या कस लावपी क्रिकेट खेळात भारताने यजमान इंग्लंड पंगडाचेर  ३३६ धावंड्यानी इतिहासिक जैत जोडले. पाचव्या दिसाचा खेळ पावसाक लागून १०० मिनिटा उसरा सुरू जालो, तरीपूण भारताच्या गोलंदाजांनी यजमान पंगडाचे उरील्ले सात गडे बाद करून हे इतिहासिक जैत जोडले. आकाश दीपान ह्या खेळात १० गडे बाद केले. मोहम्मद सिराजान ७ गडे बाद केले. भारताने इंग्लंड पंगडामुख़ार ६०८ धावंडयांचे मोख दवरील्ले. तांचो दूसरो डाव २७१ धावंड्याचेर सोपलो. ह्या जैताक लागून ही पाच खेळांची खेळामाळ १-१ अशी बादाबाद जाल्या. ह्या मैदानाचेर भारताचो हो पयलोच कस लावपी खेळातलो जैत थारलो.